**डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मुख्यमंत्री पदाचो सोपूत घेतलो**

ता. 28 मार्च 2022

आयज ताळगांवच्या डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर जाल्ल्या सोपूतविधी सुवाळ्यात डॉ. प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी, केंद्रीय रस्ते आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत गोंय राज्याच्या मुख्यमंत्री पदाचो सोपूत घेतलो. जाल्यार श्री. विश्वजीत राणे, मॉविन गुदिन्हो, रवी नाईक, निलेश काब्राल, सुभाष शिरोडकर, रोहन खंवटे, गोविंद गांवडे आनी आतानासियो मोन्सेरात हांणी मंत्री पदाचो सोपूत घेतलो.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी मुख्यमंत्री तशेंच हेर मंत्र्यांक अधिकार आनी गोपनियतेचो सोपूत दिलो. मुख्य सचीव पुनित कुमार गोयल हांणी मुख्यमंत्री आनी मंत्र्यांच्या नेमणूकेचो आदेश वाचलो.

सोपूतविधी सुवाळ्याक केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, हिमाचल प्रदेशाचे राज्यपाल श्री. राजेंद्र आर्लेकर, हरियाणाचे मुख्यमंत्री मनोहरलाल खट्टर, मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री शिवराजसिंह चौहान, उत्तराखंडाचे मुख्यमंत्री पुष्कर सिंह धामी, त्रिपुराचे मुख्यमंत्री बिप्लब कुमार देव, कर्नाटकाचे मुख्यमंत्री बसवराज बोम्मई, हिमाचल प्रदेशाचे मुख्यमंत्री जयराम ठाकूर आनी हेर मानेस्त उपस्थीत आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/202

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji